# अक्षता, सुकूर सांस्कृतिक दीस सर्तींचे जैतवंत

ता. 23 नोव्हेंबर 2018
2 मार्गशीर्ष 1940

माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या करमणूक क्लबावतीन आयज सांस्कृतिक दिसा आयोजित केल्ल्या सर्तींत श्रीमती अक्षता नाईक आनी श्री. सुकूर नदाफ जैतवंत थारले. राष्ट्रीय एकात्मता सप्तकाचो एक भाग म्हुण सांस्कृतिक दीस कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले.

सर्तींचे दुसरे इनाम श्री. धनंजय केरकर जाल्यार तिसरे इनाम प्रमोद नाईक हांका फावो जाले. अम्रीता नाईक आनी साईराज महाडीक हांका खास इनाम भेटयले.

नामनेचे नाटयकर्मी आनी कला अकादमीचे कार्यकारी सदस्य श्री. रविंद्र आमोणकर कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण हाजीर आशिल्ले. तांणी सर्तींचे परिक्षणय केले. तांणी सर्तींत सहभागी जाल्ल्या स्पर्धकांचे अभिनंदन करून कर्मचा-यांनी अशा सर्तींनी वाटो घेवन आपली कला दाखोवपाक जाय अशें सांगले.

माहिती अधिकारी श्री. जॉन आगियार हांणी येवकाराचे उलवप केले आनी निमणे उपकार मानले.

माहिती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक आनी खात्याचे हेर कर्मचारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

श्रीमती जान्हवी सावईकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1758